उद्देजकताय विकास कार्यक्रमाचे आयोजन

ता. 30 सप्टेंबर 2026

सुक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देजकताय विकास आनी सुविधा कार्यालया वतीन 28 ऑक्टोबर ते 6 नोव्हेंबर 2026 मेरेन राय पंचायत सभाघर, राय-साश्ट हांगा “हर्बल कॉस्मेटिक उत्पादनां तयार करप” ह्या विशयाचेर उद्देजकताय/कुशळटाय विकास कार्यक्रम आयोजीत करपात येतलो.

थळावे युवक आनी नवीन वेवसायिकांक आवश्यक तांत्रिकी कुशळटाय आनी वेवसायिक ज्ञान दिवन तांकां हर्बल कॉस्मेटिक उत्पादनां तयार करपाचो वेवसाय सुरू करपाक प्रोत्साहन दिवप हो कार्यक्रमाचो उद्देश आसा.

इत्सुक उमेदवारांनी कार्यमात सहभागी जावपाक नांवनोंदणी करपा खातीर सुक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देजकताय विकास आनी सुविधा कार्यालय, मडगांव गोंय हांगा संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/661

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.